Aakashvani PANAJI

Regional news

7.25 am 24th December 2025

Cm vehicle 83

गोंय पुलिशेच्या येरादारी विभागाक आनी आपत्कालीन तशेच अपघातावेळार लागपी vehicle mounted camera vehicle तशेंच crane आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज संबंधीत फाट्याक दील्या.रस्ते नेम आनी शिस्तीचे गांर्भीर्य लक्षात घेवन सरकारान ह्यो गाडयो पुलीशेक दीला.body mounted camera चो उपेग करून गाडयो चलयतना रस्त्याचे नेम मोडप्यांचेर कारवाय करपाक अशा पद्धतीच्या यंत्रणचो उपेग करपी गोंय हे देशातले पयले राज्य आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.ह्यो गाडयो केंद्रीय गृह खात्याकडल्या मेळ्ळील्लो निधी, यरस्तो सुरक्षा वेवस्थापन तशेंच राज्य सरककाराच्या निधीचो उपेग करून घेतला अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्या दील्या. Cm byte

CM pli 58

गुंतवणूक प्रचार मंडळ म्हळ्यार इन्वेस्टर्स प्रोमोशनल बोर्ड बसकेंत खुबशा प्रकल्पाचे उलोवणे झाले अशे मुखेलमंत्री dr प्रमोद सावंत हानी म्हणाला . PLI SCHEME वरवीं गुंतवणूक आणि हेर संधीक चालना मेळटाली . राज्यांत 100 कोटी परस चड गुंतवणूक करप प्रोत्साहन दितले अशे मुखेलमंत्री दर. प्रमोद सावंत हाणी म्हणला CM PLI BYTE

Ganesh 70

गुंतवणूक उर्बा मंडळाच्या बसकेत 217.25 कोटींच्या 10 नव्या प्रकल्पांक मान्यताय दिली. हातूतल्यान 941 नोकऱ्यो तयार जातल्यो. पर्यटन, अन्न प्रक्रीया, लॉजीस्टीक, पॅकेजिंग आनी इलेक्ट्रॉनिक्स प्रकल्पाक आयपीबीन मान्यताय दिल्या.मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. हे बसकेक उद्देगमंत्री मॉविन गुदिन्हो, जीआयडीसीचे अध्यक्ष अलेक्स रेजिनाल्ड, मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.गोंय उद्देगिक आनी गुंतवणूक उर्बा धोरण 2022 खाला सरकारान तरेकवार प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या. ह्या प्रकल्पांचो नियाळ मुखेलमंत्र्यांनी बसकेत घेतलो.

rashmi 125

25-30 डीसेंबर ह्या काळात भाजपावतीन राज्यात गोंयात अटल स्मृति परिशदेचें आयोजन केलां. आयच्या तरणाट्यांक अटल बिहारी वाजपेयी आनी ताच्या समाजीक वावराची म्हायती मेळची म्हणून राज्यभर हें परिशद घडोवन हाडटात अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.ह्यावेळार पक्षाच्या जायत्या कार्यावळीवीशी बसका घेतली. आनी फुडल्या दिसांनी जावपी जायत्या कार्यावळींचेरूय चर्चा केली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

जिल्हो पंचायत वेंचणुकेत जैतीवंत जाल्या सगळ्या जिला पंचायत उमेदवारांक परबीं दिवपा खातीर आयज भाजपान पणजे एका नामनेच्या हॉटेलात बसका घेतली.ह्या बसकेउपरांत पत्रकारांकडे उलयतना मुखेलमंत्र्यान ही म्हायती दील्या.

Mhadei 84

म्हादय उदकाच्या तंट्याच्या फांटभुयेर स्थापन जाल्या म्हादय प्रवाहची बसका फाल्या बुदवारा नवी दिल्लीत जातली. म्हादय न्हंयचेर ल्हान (मायनर) उदका प्रकल्पांक मान्यताय दिवपाचो विशय अजेंड्याचेर आसा. उदका पुरवण खात्याच्या अधिकाऱ्यां कडल्यान ही म्हायती मेळ्ळी.प्रवाहची ही पाचवी बसका आसा. म्हादय पात्रात शेती तशेच पियेपाच्या उदका खातीर ल्हान प्रकल्प उबारपाचो प्रस्ताव आसा. गोंय सरकारान तरेकवार थळांचेर उदका प्रकल्पांचे प्रस्ताव तयार केल्या. ह्या प्रकल्पांक प्रवाहाची मान्यताय आवश्यक आसा.

म्हादय उदकाच्या तंट्याच्या फांटभुयेर स्थापन जाल्या म्हादय प्रवाहची बसका फाल्या बुदवारा नवी दिल्लीत जातली. म्हादय न्हंयचेर ल्हान (मायनर) उदका प्रकल्पांक मान्यताय दिवपाचो विशय अजेंड्याचेर आसा.

वेदर 25

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल ३२.६ आणि किमान १९.४ नोंद जाला .राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला

Sports

बुध्दिबळांत काल मुंबयंत जाल्ल्या फायनलींत भारतीय ग्रॅण्डमास्टर आर प्रग्नानंधा आनी अनीश गिरीच्या आल्पायन एसजी पायपर्स हांणी ग्लोबल चेस लीग 2025 सीझन 3 खिताब जिखलो.